**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं पोर्ट्रेट प्रदर्शनाचे उक्तावण**

ता. 15 नोव्हेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल साखळीच्या रवींद्र भवनात म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या पोर्ट्रेट-फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण केले.

आदले खासदार एड. नरेंद्र सावईकर, आदले आमदार श्री. सदानंद शेट तानावडे, पालवी म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गावकार, चित्रकार श्री. वसंत नगर्सेकर आनी श्री. नागेश सरदेसाय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

अशां प्रदर्शनातल्यान लोकांक आनी खास करून विद्यार्थ्यांसयत तरणाट्या पिळगेंक स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांनी गोंय मुक्ती चळवळीखातीर दिल्ल्या योगदानाची म्हायती जावपाक मदत जातली, अशें ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

साखळीच्या रवींद्र भवनात प्रदर्शन लोकांखातीर 21 नोव्हेंबर 2021 मेरेन उकते आसतले आनी ते उपरांत 24 ते 30 नोव्हेंबर 2021 मेरेन हे प्रदर्शन मडगांवच्या रवींद्र भवनात आयोजीत करतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/951

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji